# परवाने आनी आरसी बुक घरा पावोवपाची सुविधा

ता. 6 जुलय 2017

15 आषाढ 1939

येरादारी संचालनालयान वाहन चलोवपाचे परवाने आनी वाहनांचे आरसी बुक अर्जदाराच्या घरा पोस्टातल्यान पावोवपाची सुविधा सूरू केल्या. अर्जदाराक एसएमएस धाडून स्मार्ट कार्डाविशी म्हायती दितले आनी त्यामूळे अर्जदाराक येरादारी खात्याच्या कार्यालयात परत परत फावटी मारच्यो पडचीना.

अर्जदारांक स्पीड पोस्टान स्मार्ट कार्ड घरा पावोवपाखातीर टपाल खात्याकडेन करार केला. अशी सेवा सूरू केल्ल्यान आरटीओ कार्यालयानी रांको लागपाचे कमी जातले. आरटीओ कार्यालयांनी ऑनलायन सेवा सूरू करपाचेय यत्न चालू आसात.